**सरकारान उद्योगांखातीर आवश्यक साधनसुविधा उपलब्ध करून दिल्यात : मुख्यमंत्री**

ता. 8 सप्टेंबर 2022

सरकारान राज्यांत उद्देगीक क्षेत्राच्या वाडिखातीर उद्देजकांक आवश्यक साधनसुविधा उपलब्ध करून दिल्यात आनी त्या खातीर पात्र थळाव्या तरणाट्यांक रोजगाराच्यो संधी उपलब्ध करून दिवप ही उद्देजकांची जबाबदारी आसा. उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या टीआयपी विभागाच्या माध्यमातल्यान सरकारान गोंयच्या तरणाट्यांक आयटी उद्देगांनी रोजगार उपलब्ध करून दिवपाखातीर प्रयत्न केल्यात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पाटो पणजी हांगा उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या प्रशिक्षण, इंटर्नशिप आनी प्लेसमेंट (टीआयपी) विभागाचे अधिकृत उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या नवीन शिक्षणीक धोरणांतर्गत "इन्स्पायर टू अॅस्पायर" ह्या टॅगलायनीसयत गोंयच्या तरणाट्यांक उद्देगांनी रोजगार उपलब्ध करून दिवप हो प्रशिक्षण, इंटर्नशिप आनी प्लेसमेंट (टीआयपी) सेलाचो उद्देश आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. तरणाट्यांनी शिकता आसतनाच आपल्या करिअराच्या बाबतात निर्णय घेवपाक जाय, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान कॉम्प्युटर सायन्स विद्यार्थांक निमाण्या वर्सात आसतनाच आयटी उद्देगांनी प्लेसमेंट मेळटा, हे तांचे भाग्य आशिल्याचे सांगलें.

फाटल्या तीन वर्सांसावन उच्च शिक्षण संचालनालयान बीएससी विद्यार्थ्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या रोजगार मेळाव्यावरवीं सुमार 40 IT विद्यार्थ्यांची गोंयांतल्या IT उद्देगांनी नियुक्ती जाल्या, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान गोंयांतल्या आयटी उद्देगांनी विद्यार्थ्यांखातीर रोजगाराची संधी उपलब्ध करून दिल्लेखातीर तांणी आयटी उद्देगांच्या प्रतिनिधींचे अभिनंदन केले.

गोंयांतल्या आयटी उद्देगांनी प्लेसमेंट मेळिल्ल्या 40 विद्यार्थ्यांक मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं ह्या वेळार ऑफर लेटर भेटयले. .

उच्च शिक्षण संचालक श्री प्रसाद लोलयेकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात रोजगार मेळाव्याविशी म्हायती दिली आनी प्रशिक्षण आनी प्लेसमेंट ड्राइव्ह आयोजीत करपाक सहकार्य केल्लेखातीर आयटी उद्देगांच्या प्रतिनिधींचे अभिनंदन केले.

आयटी इंडस्ट्री असोसिएशनचे प्रतिनिधी श्री मिलिंद अणवेकर हांणी गोंयांत आयटी उद्देगांनी उपलब्ध आशिल्ल्या रोजगार संधीविशीं म्हायती दिली.

टीआयपी विभागाचे समन्वयक श्री निऑन मॅशॉन हांणी टीआयपी सेलाचो नियाळ सादर केलो.

ह्या कार्यक्रमाक शिक्षण सचिव श्री रवी धवन, सीएसआर प्रमुख स्वप्निल चक्रवर्ती, राज्य उच्च शिक्षण परिषदेच्यो वांगडी श्रीमती वंदना नाईक आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/510

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji